# Panaji regional news 13 July. 2025,7.20pm

## मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद

आयआयटीन देशाचे उदरगतींत म्हत्वाचें योगदान दिलां आनी अभियंते हे आधुनीक भारताचे शिल्पकार आसात अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आपलें सांगलें. इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी, गोंय हांणी आयतारा 13 जुलय 2025 दिसा फोंडाच्या राजीव गांधी कला मंदिरांत सवो दीक्षांत सुवाळो आयोजीत केल्लो.ह्या कार्यावळींत गोंयचो मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत खास निमंत्रित म्हूण हाजिर अशिलले. फुडें उलयतना तांणी सांगलें की, भारत 2047 मेरेन विकसीत देश जातलो आनी 2037 मेरेन गोंय विकसीत गोंय जावपाचे वाटेर आसा.गोंय सरकार अंत्योदय तत्वाचेर काम करता आनी आयआयटी गोंय सध्या फार्मागुडींतल्या गोवा अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या परिसरांतल्यान तात्पुरतो वावुरता. पूण गोंय सरकार आयआयटी गोंय खातीर वेगळो कॅम्पसा खातीर सुवात दिवपाचो यत्न करता अशेंय तांणी सांगलें. स्टार्टअपांतल्यान नोकरी घेवचे परस नोकरी दिवपी जावचें अशें तांणी आयआयटी अभियंत्यांक आवाहन केलें. तशेंच आयआयटी गोंयांतल्यान पदवी मेळयल्ल्या दरेका विद्यार्थ्याक गोंय राज्याचे उदरगती खातीर यत्न करचे आनी पयलीं देशाच्या भावनेन वावुरचें आनी भारताचे उदरगती खातीर  यत्न करचे अशें आवाहन तांणी केलें. केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हे कार्यावळीक व्हर्च्युअल माध्यमातल्यान मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आशिल्ले.या कार्यक्रमात बी.टेक, एम.टेक आणि पीएच.डी. अभ्यासक्रम पूर्ण केलेल्या 174 पदवीधर विद्यार्थ्यांक पदवी देऊन सन्मानित केले. या समारंभात पदवी प्रदान आणि शैक्षणिक उत्कृष्टते खातिर पदकांचे वितरण जाले. आनी ताचे वांगडाच आयआयटी गोंयचे संचालक प्राध्यापक धीरेंद्र एस. कट्टी हानी वार्षिक अहवाल सादर केलो.आयआयटी गोंयच्या राज्यपाल मंडळाचे अध्यक्ष आदिल सिराज जैनुलभाई हांणी ह्या कार्यावळीचें अध्यक्षपद सांबाळ्ळें. तंत्रगिन्यानाच्या

मळार आयआयटीन म्हत्वाची कामगिरी केल्या आनी भारताच्या जीडीपीक उंचेल्या पांवड्यार व्हरपाक आयआयटी अभियंत्यांचो व्हड वांटो आसा अशें तांणी आपल्या उलोवपांत सांगले. स्वताच्या उदरगती वांगडाच नवो भारत बांदपाच्या विकसीत भारताच्या उपक्रमांत योगदान दिवपाचें आवाहन तानी ह्या वेळार पदवीधर विद्यार्थ्यांक केलें.

## पोट वेंचणूक

पेडणे ताल्युक्यांतल्या हरमल ग्रामपंचायतीच्या प्रभाग ४आनी फोंडें ताल्युक्यांतल्या दुरभाट पंचायतींतल्या प्रभाग २ च्या रीत्या सुवातांखातीर २ आगश्टाक पोट वेंचणूक जातली.४ आगश्टाक मत मेजणी जातली.वेंचणुके खातीर आचार संहीता ९ जुलय सावन लागू जाल्ल्या.उमेदवारांच्या अर्जांची छाननी २३ जुलयाक जातली.मतदान २ आगश्टाक सकाळीं ८ तें सांजवेळां ५ मेरेन जातलें.

## गोंय विद्यापीठ

गोंय विद्यापीठ प्रवेश क्रमवारी चांचणी (जीयू-एआरटी) 2025-26 शिक्षणीक वर्सा खातीर पदव्युत्तर कार्यावळी दिवपी गोंय विद्यापिठांत आनी ताच्या संबंदीत म्हाविद्यालयांनी दिल्ल्या वेगवेगळया पदव्युत्तर पदवी कार्यावळींनी प्रवेश मेळोवपा खातीर पयलो फेरी आनी दुसरी फेरी –दुसरी जाल्या. जीयू-एआरटी फेरी-पयली आनी फेरी-दुसरी हांचेर आदारीत, वेगवेगळया कार्यावळीं खातीर क्रमवारी प्रमाण वेंचून काडिल्ल्या उमेदवारांनी आपली सुवात पुष्टी केल्या. अजूनय सुवाती उपलब्ध आशिल्ल्यान विद्यापिठान अर्ज आपोवपाचें थारायलां आनी जीयू-

एआरटीची फेरी-पयली आनी फेरी-दुसरी, त्या त्या कार्यावळीं खातीर चलोवपाचें थारायलां.सकयल दिल्ल्या पीजी कार्यावळींत प्रवेशा खातीर अर्ज ऑनलायन मोडा वरवीं फकत 10 जुलय 2025 ते 15 जुलय 2025 मेरेन स्वीकारतले.इत्सूक उमेदवारांनी गोंय विद्यापिठाच्या संकेतथळार भेट दिवपाची म्हायती दिल्या: www.unigoa.ac.in तपशीलां खातीर.

## सोमारच्यान रो- रो फेरी सुर

**रायबंदर-चोडण मार्गार रो- रो फेरी सोमारा, 14 तारखेर उक्तावण जावन ती प्रवाशां खातीर उक्ती जातली. एके फेरीबोटींत 15 मोटारी, 40 स्कुटरी आनी 100 प्रवाशी वांगडा घेवन वचपाची तांक आसा. प्रवाश्यांक 12 मिण्टां परस चड वेळ वाट पळोवची पडची ना अशें न्हंय येरादारी मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी सांगलें. ह्या मार्गार दोन रो- रो फेरी चलतल्यो.**

रायबंदर- चोडण मार्गार द्वारका आनी गंगोत्री ह्यो दोन रो- रो फेरी धांवतल्यो. प्रत्येकाची तांक चार फेरीबोटीं इतली आसा. ही फेरी रायबंदर ते चोडण हें अंतर सात ते आठ मिण्टा भितर पुराय करतले. देखून फेरीबोटीची वाट पळोवपाचो आनी तातूंत प्रवास करपाचो वेळ 12 मिण्टां परस चड आसचो ना, अशें फळदेसाय हांणी सांगलें.

मोटारी आनी स्कुटरींच्या सुवाती खातीर मार्किंग करुन दवरलां. फेरीबोटीच्या दोनूय वटेन मोटारी उबे करतले जाल्यार मदीं स्कुटरीं उब्यो करतले. ह्यो सगळयो गाडयो एकवटेन भितर सरून दुसरे वटेन एकाच वांगडा भायर सरतल्यो अशें फळदेसाय हांणी म्हणले.

जेन्ना आमी अत्याधुनिक फेरी घालपाक वता तेन्ना न्हंय येरादारी खात्याचो महसूल चड नाशिल्ले कारणान अर्थीक खात्या कडल्यान आडखळी तयार जातात. देखून सुरवेक आमी प्रवाशांक आनी उपरांत स्कुटरींक शुल्क लावपाचो विचार केल्लो. पूण आमी प्रवाशांक आनी स्कुटरींक फुकट प्रवास दवरून मोटारीं खातीर रु. 600 म्हयन्याचो पास दिवपाचो थारयलो. पास ना जाल्यार मोटारींक दर दिसा रु. 30 भरचे पडटले. ह्या दराचेर एका म्हयन्या उपरांत नियाळ घेतले, अशी म्हायती फळदेसाय

रो - रो फेरीची मागणी करपी पत्र दिवाडी आनी बेती पंचायतीन न्हंय येरादारी खात्याक बरयला.

ही फेरी बांदपा खातीर सरकारान एक रुपया पसून खर्च करूंक ना. ही फेरी बिल्ट ॲण्ड ऑपरेट तत्वाचेर कार्यरत जातली, अशे ताणी सांगले.

## नुस्तेमारी हंगामाची सुरवात

बाणावले वाठारांतल्या पारंपारीक नुस्तेकारांनी काल दर्याची आनी बोटींची पुजा केलें उपरांत आयज दर्यांत बोटी सोडून,रापण उडोवन नव्या नुस्तेमारी हंगामाची सुरवात केली.

आयज कोलवा दर्यावेळेचेर थळाव्या रांपणकारांक व्हड प्रमाणांत नुस्तें मेळ्ळें.आयज सुरु केल्ल्या पयल्याच दिसा रांपणकारांक वेगवेगळया तरांचे नुस्तें व्हड प्रमाणांत मेळ्ळें.ताका लागून नुस्तेकारांनी खोंस परगटायली.

## रक्तदान

आगरवाडा येथील सार्वजनिक गणेशोत्सव मंडळाचे पदाधिकारी आणि सदस्य रविवारी बाळूमामाच्या दर्शनाला गेले होते त्या ठिकाणी बाळूमामा प्रतिष्ठान तर्फे रक्तदान शिबिराचे आयोजन केलं होतं या शिबिरात मंडळाचे अध्यक्ष बाबली राऊत उपाध्यक्ष अमोल राऊत आणि मंगेश पडते यांनी रक्तदान केले बाळूमामा

प्रतिष्ठान तर्फे रक्तपेढी चालवली जाते या रक्तपेढीसाठी दर रविवारी रक्तदान शिबिराचे आयोजन केले जाते हे रक्त गरजूंना मोफत पुरविले जाते त्यासाठी कुठल्याही प्रकारचा आर्थिक मोबदला घेतला जात नाही याशिवाय बाळूमामा ट्रस्टच्या वतीने या ठिकाणी रुग्णालय ही चालवले जाते भक्तावर मोफत उपचारही केले जातात वेगवेगळया प्रकारच्या वैद्यकीय सुविधाही या ठिकाणी उपलब्ध केल्या जातात कोल्हापूर येथील अर्पण रक्तदान केंद्रातर्फे ही शिबिरे आयोजित केले जातात या शिबिरातून संकलित केलेले रक्त गरजूंना मोफत पुरविले जाते या शिबिरात दर रविवारी 30 ते 40 रक्तदाते रक्तदान करीत असतात सार्वजनिक गणेशोत्सव मंडळाने रविवारी या ठिकाणी भेट देऊन बाळूमामाचे दर्शन घेतले यात यावेळी त्या ठिकाणी चालू असलेल्या रक्तदान शिबिरातही त्यांनी भाग घेतला

पावस

सध्या गोंयांतल्या पावसाचो नेट उणो जाला.पुणून मदीं मदीं व्हड पावस पडपाची नोंद सुरू आसा गोंयांत १जुन ते ११ जुलय ह्या काळांत सरासरी ५०.०४इंच पावसाची नोंद जाल्या.संबंदीत काळांत राज्यांतल्या १४ केंद्रांतल्यान स केंद्रानी सरासरी ५० इंच पावस पुराय केला.आतांमेरेन सगळयांत चड ७५.९०इंच पावस धारबांदोड्या वाठारांत नोंद जाला.हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांत दडकांनी पावस शिवरपाचो अदमास उक्तायला.ते प्रमाण फुडल्या तीन दीसांखातीर पावसाचो यलो एलर्ट जारी केला.फुडल्या पांच दिसांत राज्यांत चडांत चड तापमान ३१अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २५अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.मजगती,वराक ४५ तें ५५किलोमीटर वतीन वारें व्हावपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या आनी नुस्तेमारप्यानी खोल दर्यांत वचचें न्हय अशी शिटकावणी नुस्तेमारी याक दिल्या.आयज हवामान खात्यांन नोंद केलां तें प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान।    अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २५अंश सेल्सियस नोंद केलां जाल्यार मुरगांवांत चडांत चड तापमान   अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान।    अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला.